# नमुनो प्रस्न पत्रिका

## कोंकणी- दुसरी भास

यत्ता- धावी वट्ट प्रस्न- 8 वट्ट गूण- 80 वेळ- 2 ½ वरां

सुचवण्यो- 1. दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.
2. प्रस्न आनी उप-प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.
3. सगले प्रस्न सक्तीचे आसात.
4. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नाचे वट्ट गूण धरचे.

1 क- सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय विधाना मुखार जोडून वाक्य पुराय करून बरयात. 3

(अ) आयज सगट नवीं नवीं सारीं आनी रसायनां घालून पीक काडटात म्हूण ----------------
(1) हे तरेन वाडयल्ल्यो वस्तू भलायकेक पोशक पडटात.
(2) हे तरेन वाडयल्ल्यो वस्तू भलायकेक वायट पडटात.
(3) हे तरेन वाडयल्ल्यो वस्तू भलायकेक सामक्यो ब-यो पडटात.

(अ) मंदाकिनी घोवा म्ह-यान बशिल्ली खरी पूण -------------------------------------
(1) तिची नदर दारा कडेन आशिल्ली.
(2) तिची नदर लोकां कडेन आशिल्ली.
(3) तिची नदर घडयाळी कडेन आशिल्ली.

(आ) एक समाज कार्य केल्ल्याची खोशी म्हूण हांवय ---------------------------------
(1) शेजा-याक वखद हाडून दितां.
(2) कांय दोतारांक सोदून काडपाचो वावर करतां.
(3) दोताराक मेळून वासपूस करतां.

(ख) सकयल दिल्लीं विधानां कंवसांत दिल्ल्या पाठांतल्या बरोवप्यांचीं आसात. तीं वळखून त्या पाठांच्या बरोवप्याचीं नांवां बरयात. 2
(एन. शिवदास, शणै गोंयबाब, दत्ता दामोदर नायक)

(अ) भितर सगळे घरेच घरे. नाजूक बरे. चांफी कशेशे.
(आ) अमस्टर न्हंयच्या उदकांत पांय सोडून हें शार वसलां.

(ग) सकयल दिल्लीं खंयचींय तीन विधानां कोणे कोणाक म्हणल्यांत तें बरयात. 3
(अ) “ना, अजिबात ना. हांव तर ह्याच खिणाची वाट पळयतां.”
(आ) “उमथ्या कळशार उदक मगे बाये.”
(इ) “तांबडो बावटो दाखयल्यार गाडी थांबता.”
(ई) “सांग- सांग म्हाका पयशे दिता काय ना?”

2 क सकयल दिल्ल्या खंयच्याय चार प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 8 ते 10 उतरांनी बरयात. 4

(अ) नासाचे अधिकारी कल्पनाचेर केन्ना भारावले?

(आ) तरणाटे रस्त्यावेले बल्ब कित्याक फोडटाले?

(इ) आदल्या काळार शेतांनी कसलें सारें वापरताले?

(ई) कामणे मावशेन कसली युक्त काडली?

(उ) सायमनाच्या पायची निमणी इत्सा कितें आसली?

ख सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 40 ते 45 उतरांनी बरयात. 8

(अ) ट्युलीप फुलांचीं शेतां पळोवन बरोवप्याच्या मनांत कितें विचार आयले?

(आ) दो. फ्रांसीश्कु लुईस गोमिश हे व्याकरणकार आशिल्ले हें कित्यावेल्यान कळून येता?

(इ) गोंयच्या लोकवेदांत भारतांतल्या सगल्या संस्कृतायेचो आसपाव कशे तरेन दिसून येता?

3 (क) सकयल ब गटांत कवितेचीं कडवीं दिल्यांत आनी भ गटांत तांचो अर्थ दाखोवपी वाक्यां दिल्यांत. त्या त्या कडव्या मुखार योग्य अर्थ बरोवन वाक्यां जुळयात. 2

| ‘ब’ | ‘भ’ |
|---|---|
| (अ) स्वता पिकून दुस-याचेच भुकेची पर्वा करपी वृक्षा | 1. तारयो गांवांत पावपाक शिडांनी वारें भरता. |
| (आ) भल्ला शिडांक वाव रे लागीं तुजो गांव रे | 2. रुख पिकता तो स्वताची भूक भागोवंक. |
| | 3. शिडांत वारें भरल्यार तारयो रोखडोच तडीर पावता. |
| | 4. रूख आपलें सर्वस्व दिवन पेल्यांची गरज भागयता. |

(ख) सकयल दिल्ल्या कवितेच्या वळींतल्यो रित्यो सुवाती कंवसांत दिल्ल्या फावो त्या उतरांनी भरून वळी परत बरयात. 2

(अ) फुलांच्या वांगडा --------------------- वा-या ल्हारार. (खेळया/ धोलया/ हालया)

(आ) मांयन केल्लो ----------------- फारीक करूंक तुका जायशें ना. (उपास/ उपाय/ उपकार)

(ग) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 8 ते 10 उतरांनी बरयात. 2

(अ) कवी आपलें गीत वडाच्या पानार कित्याक बरोवंक सोदता?

(आ) भारत देशाक सर्व धर्म समभावी अशें कित्याक म्हणलां?

(इ) पारवे आपल्या घोंटेराक काडयो केन्ना वेचतात?

(घ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी 20 ते 25 उतरांनी बरयात. 6

(अ) ‘मोगाळ मांय’ हे कवितेंत हो सवंसार भुरग्यांनी पळोवंक आवयन कितें केलां?

(आ) फात्या पारार कवी सवंसार कशे तरेन जागोवंक सोदता?

(इ) मनशान आपलें सपन कशे तरेन पुराय करूंक जाय?

(ई) कवीन तारयाचो नाच ‘सरयांवयलो नाच’ कित्याक म्हणलां?

4 क- सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या वाक् प्रचारांचो वापर करून विधानां परत बरयात. 2

(कपलाची शीर ताणप, तोंड वाकडें करप, मार्गाक लागप, मातये भरवण जावप)

(अ) सगळीं जाणां सायमनाक सोडून <u>चलूंक लागलीं</u>.

(आ) हुंवाराक लागून सगळें <u>नश्ट जालें</u>.

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांचीं उरफाट्या अर्थाचीं उतरां बरयात. 2

(अ) अशूभ (आ) वायट (इ) अहिंसा (ई) म्हारग

(ग) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांचीं विशेशणां करून बरयात. 2

(अ) लांबाय (आ) सोशीकसाण (इ) ल्हानपण (ई) पातक

(घ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांचीं भावनामां करून बरयात. 2

(अ) मायेस्त (आ) मोग (इ) सोबीत (ई) सादो

5 (क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय स वाक्यांत कंवसांत दिल्ले सुचवणे प्रमाण बदल करून बरयात. 2

(अ) कल्पनाक तिचें सपन अमेरिकेंत घेवन गेलें. (काळ वळखून बरयात)

(आ) ताणे <u>मानायांचे</u> आनी <u>तांचे</u> पयशे दिले. (आडी मारिल्ल्या उतरांची जात वळखून बरयात)

(इ) आयलो एक अणभव अमस्टरडॅमांत मजेदार. (उतरांची योग्य मांडणी करून बरयात)

(ई) खानांतले कापसाचे गुढले काडून दिले. (वाक्य शुद्ध करून बरयात)

(उ) ती व्हंकल कशी मिरयताली. (लींग बदलून वाक्य बरयात)

(ऊ) वा! वा! तूं मात ह्या भेसांत बरें दिसता. (अव्यय वळखून बरयात)

(ए) त्या पस-यार आमकां कांयच सवाय लागनाशिल्लें. (अर्थ बदलिनासतना वाक्य हयकारी करात)

(ख) सकयल दिल्लीं खंयचींय दोन अव्ययां वापरून दरेकी एक-एक वाक्य घडयात. 2

(अ) सवकास (आ) वांगडा (इ) देखून

6 (क) सकयल दिल्लो संवाद भोंवडेकार आनी बसीचो कंडक्टर हांचे मदीं आसा. तो तुमच्या उतरांनी पुराय करात आनी परत बरयात. 4

भोंवडेकार: ही बस खंय वता?

कडक्टर: ----------------------------------------

भोंवडेकार: म्हाका काणकोण वचपी बस जाय.

कंडक्टर: ---------------------------------------

भोंवडेकार: ती केन्ना सुट्टली?

कंडक्टर: ---------------------------------------

भोंवडेकार: -------------------------------------

कंडक्टर: दुस-यांक आदार दिवप हें दर एकल्याचें कर्तव्य.

(ख) आग्नेल झाडां कातरता तें पळोवन पलाश ताका आडायता. आग्नेल आनी पलाश हांचे मदीं जाल्लो संवाद 5 ते 6 वळींनी बरयात. 4

7 (क) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात.

जेवतना- खातनाच न्हय तर अभ्यास करतना लेगीत टी.वी. मुखार बशिल्लीं आतांचीं भुरगीं पळयतगीच म्हजें मन निर्शेता. टी.वी.वयले कार्यक्रम पळोवचे पूण तांकांय एक मर्यादा आसची असो हांव मनांत विचार करतां. अभ्यासा भायर दर दिसा दिसाळीं वाचचीं. विंगड विंगड विशयांवेलीं पुस्तकां वाचचीं. वाचनान गिन्यानांत भर पडटा. आपले नकळत विचारसरणेंत बदल घडटा. ते खातीर बरीं पुस्तकां वाचप गरजेचें. पुस्तकां सारखो खरो आनी बरो इश्ट ना.

प्रस्न: (अ) बरोवप्याचें मन केन्ना निर्शेता? 1

(आ) बरोवपी कित्याक मर्यादा आसची अशें म्हणटा? 1

(इ) पुस्तकां विशीं बरोवपी कितें सांगता? 1

(ई) आमच्या गिन्यानांत भर केन्ना पडटा? 1

(उ) वयल्या उता-याक फावोसो माथाळो दियात. 1

(ख) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचो कोंकणीत अणकार करून बरयात. 2

To seek more knowledge is my desire. To achieve this, I study hard and attend school regularly.

(ग) सकयल दिल्ल्या मुद्द्यांच्या आदारान योग्य माथाळो दिवन सुमार 100 उतरांनी काणी बरयात. 5

एक दूदकार....... दूद विकप.... दुदांत खूब उदक घालप..... गिरेस्त जावप.... नव्यो म्हशी हाडपाक भायर सरप.... वाटेर तळें लागप..... पयशांची पोटली धडेर दवरप.... उदकांत न्हावंक देवप..... माकडान पळोवप.... पयशांची पोटली घेवन वचप.... पयशे काडून भायर उडोवप..... थोडे जमनीर थोडे उदकांत पडप..... देख.

8 (क) तूं अनीश/ अनिशा सामंत, रावता आकें- मडगांव, गोंय ह्या नाम्यार सावन आयच्या काळांत शिक्षण कितलें म्हत्वाचें तें पटोवन दिवपी चीट तुज्या इश्टाक/ इश्टीणीक बरयात. 5

वा

तूं रॉय रिना/ डिसोजा, रावता पैंगीण- काणकोण, गोंय ह्या नाम्यार सावन तुमच्या वाठारांत रस्ताद गोरवांक लागून घडपी अपघातांचेर बेगोवेग उपाय घेवचो म्हूण मागणें करपी चीट पंचायतीक बरयात. 5

(ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर निबंद बरयात. 7

(अ) सुकिल्ल्या झाडाची आपजीण

(आ) हॉस्पीटलांत एक वर

(इ) गोंयचें पर्यावरण आनी आमी

(ई) हांव शिक्षक जालों जाल्यार......